# गोंय विज्ञान केंद्रात संवसारीक लोकसंख्या दीस

दि. 11 जुलय 2017
20 आषाढ 1939

गोंय विज्ञान केंद्रान आयज मिरामार हांगा भलायकी सेवा संचालनालय आनी राज्य कुटुंब कल्याण मंडळाच्या सहकार्यान संवसारीक लोकसंख्या दीस मनयलो. नयी लहर नया विश्वास, संपूर्ण जिम्मेदारी से परिवार विकास अशी ह्या वर्साच्या संवसारीक लोकसंख्या दीसाच्या कार्यक्रमाची संकल्पना आसा.

कार्यक्रमापयली गोंय विज्ञान केंद्रान उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांखातीर निबंद लेखन आनी परिसंवाद सर्तीचे आयोजन केल्ले.

भलायकी सचीव श्री. सुधीर महाजन हे कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आशिल्ले. तांणी ह्या वेळार उलयताना ल्हान कुटुंब आसप म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सागून लोकसंख्यावाड समतोल राखपाची गरज उक्तायली आनी हो उद्देश पूर्ण करपाखातीर वेगवेगळे उपाय घेवपावांगडाच समाजामदी जाग्रुताय करप आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगले.

तशेंच तांणी सर्तीच्या जैतवंताचेय अभिनंदन केले. नियोजन आनी सांख्खीकी खात्याचे जोड संचालक श्री. विजय सक्सेना हांणी आपल्या उलोवपात भारताची लोकसंख्या संवसारात दुसऱ्या नंबराचेर आशिल्ल्याचे सांगून लोकसंख्यावाड नियंत्रणात दवरपाखातीर कुटुंब नियोजन म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगले.

गोंयात जल्मप्रमाण नियंत्रणात आसून भलायकेच्या मळार गोंयात बरी परिस्थीती आशिल्ल्याचे तांणी सांगले.

मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. वंदना धुमे हांचेय हे वेळार उलवप जाले.

निबंद सर्तीत शेरी मार्टिन, सेंट झेवियर उच्च माध्यमिक म्हापसा, सुविध्या नाईक साळकर उच्च माध्यमिक चोडण, दियाने डिसौझा, सेंट झेवियर उच्च माध्यमिक शिवोली हांणी पयले, दुसरे आनी तीसरे बक्षीस मेळयले. जाल्ल्यार सिध्दी घाडी आनी क्रिशा प्रभूदेसाय हांका उमेद वाडोवपी बक्षिस दिले.

परिसंवाद सर्तीत नावेलीच्या रोझरी महाविद्यालयाच्या अर्चना कुमार आनी निकोली डिकॉस्ता हांणी पयले आनी दुसरे बक्षीस मेळयले.

कार्यक्रमाक भलायकी सेवा संचालनालयाचे जोड संचालक डॉ. जुजे डिसोझा, विज्ञान केंद्राचे प्रकल्प संचालक एम. एम. के. बालाजी, विद्यार्थ्यी आनी कर्मचारी हजर आशिल्ले.

श्री. उमेश खोलकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसचांलन केले जाल्यार वंदना नाईक हांणी निमणे उपकार मानले.